गोंय सरकार

म्हायती आनी प्रसिध्दी खातें

पणजी गोंय

सरकारी पत्रक

**पोर्तावाडो शिवोली हांगा सवाय धान्य दुकान सुरू करपाक अर्ज**

ता. 5 ऑक्टोबर 2019

बार्देस तालुक्यातल्या पोर्तावाडो-शिवोली हांगा सवाय धान्य दुकान सुरू करपा खातीरसुशिक्षीत बेरोजगारांची सहकारी संस्था, नोंदणीकृत सहकारी संस्था, अनुसूचीत जाती- जमातीतले सुशिक्षीत बेरोजगार, स्वातंत्र सैनिक, शारीरिक अपंगुळ आनी आवश्यक जागो आनी भांडवल आशिल्ल्या इत्सुक व्यक्तींकडल्यान अर्ज मागयल्या.

सुशिक्षीत बेरोजगार मान्यताप्राप्त शाळेतल्यान शालांत परीक्षा उत्तीर्ण आसपाक जाय आनी रोजगार विनिमय खात्याकडेन नोंदणी जाल्ली आसपाक जाय. अर्जदारांची पिराय 18 ते 45 वर्सां मजगती आसपाक जाय. तशेंच उमेदवाराच्या कुटुंबातली खंयचीय व्यक्ती राज्यांत सवाय धान्य दुकान चलोवपी आसपाक जायना.

उमेदवारांचे अर्ज ता. 3 नोव्हेंबर 2019 मेरेन बार्देस तालुक्याच्या मामलेदार कचेरीच पावपाक जाय.

म्हा /सप/ एमएस/ जॉआ/ विगां/ 2019/665